# <u>10 वेच्या विद्यार्थ्यां खातीर गणीत आनी विज्ञान विशयाचे ऑनलायन वर्ग</u>

ता. 2 एप्रिल 2020

शिक्षण संचालनालय आऩी राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळ, पर्वरी हे Jio-Embibe-जिओ-इम्बायब प्रा. लि. हांच्या सहकार्यान मंडळाच्या एप्रिल 2020 च्या परिक्षेक बसपी सगळ्यां सरकारी आनी सरकारी अनुदानप्राप्त माध्यमिक शाळांच्या 10 वेच्या विद्यार्थ्यां खातीर गणीत आनी विज्ञान विशयांत संगणक आधारीत ऑनलायन मॉक टेस्ट (परिक्षा) घेता.

जिओ-इम्बायब- Jio-Embibe पंगडान 10 वेच्या विद्यार्थ्यां खातीर एक उपयुक्त अशी शिकपाची येवजण तयार केल्या. विद्यार्थ्यांची भलायकी सांबाळप आनी तांच्या शिक्षणात आडखळ येवची न्हय हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. ह्या प्रकल्पाखाला विद्यार्थ्यांक तांच्या घरांत रावन सोयिस्कर आनी सुरक्षीत तरेन शिकपाक आनी परिक्षेखातीर फुकट सुविधा दितले.

विद्यार्थ्यांनी ऑनलायन परिक्षा दिवपा खातीर https://www.embibe.com/mock-test/cbse/10th-cbse-mocktest. हाचेर भेट दिवची.

तशेंच 4 एप्रिल 2020 सावन www.liveshaala.com चेर विशयाप्रमाण ऑनलायन वर्ग सुरू जातले. त्या खातीर विद्यार्थ्यांनी Zoom App डावनलोड करून घेवचे.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/211

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA